**तय लोकसभा 180**

गोयांत लोकसभेच्या 2 सुवातांखातीर 7 मेक मतदान जातले. उत्तर गोयातले 5 लाख 77 हजार 77 मतदार आपलो खासदार वेचतले. जिल्हयांत 863 मतदान केंद्रा उबारल्यात. आनी जिल्लो प्रशासनान पुराय तयारी केल्या अशी म्हायती जिल्लो अधिकारी डॉ. स्नेहा गित्ते हाणी पत्रकार परिशदेत दिल्या. हे वेळार पुलिस अधिक्षक अक्षत कौशल हजर आशिल्ले. लोकसभा वेचणुकेखातीर उत्तर गाँय लोकसभा मतदार संघातली वेचणूक तयारेविशी म्हायती दितना केंद्रीय आनी राज्य मुखेल वेचणूक अधिका-यानी लोकसभा वेचणुकेची कार्यावळ जाहीर केल्या अशे स्नेहा गित्ते हाणी सांगले. ते प्रमाण 12 ते 19 एप्रिल अर्ज सादरीकरण, 22 एप्रिल अर्ज फाटी घेवपाक आनी मतदान 7 मेक जातले. निकाल 4 जुनाक जातलो. दक्षिण गोयांत 112 जाल्यार उत्तर गोयांत 115 विभागीय अधिका-यांची नियुक्ती केल्या. दक्षिण गोयांत 37 आनी उत्तर गोयांत 16 तपासणी पंगड राज्यातले म्हत्वाचे रस्ते, जंक्शन हाँगा कार्यरत आसतले अशे कौशल हाणी सांगले. सोरो तस्करी आनी हेर गैरप्रकार टाळपाक शीमेर चौवीस वरा पुलिस आसतले, सीसीटीवी कॅमेरे लायल्यात. कसलोय गैरप्रकार दिसल्यार 2225383 वा 9699793464 हया क्रमांकाचेर सम्पर्क करू येता अशे ताणी सांगले. मतदान केंद्राभायर सावळीखातीर सोय, पिवकपाच्या उदकाची सोय, शौचालय, दिव्यांगाखातीर रॅम्प आसतले. 20 अतदान केंद्रा गुलाबी आसतली तर 5 मतदान केंद्रा दिव्यांगांक आसतली अशी म्हायती ताणी दिली.

**क्षिण गोंय 80**

दक्षिण गोंय जिल्होधिकारी अश्विन चंद्र हाणी दक्षिण गाँय पुलिस अधिक्षक सुनिता सावंत हाँचे वांगडा पत्रकार परिशद घेतली. लोकसभा वेचणुकेच्या फाटभुयेर आचार सन्हिता लागू जाल्ल्यान 50 हजारा परस चड रक्कम घेवन

फिरपाक मनाई आसा अशे सांगले. रक्कम चड आसत जाल्यार तेविशीची कागदपत्रा आसची पडटली. नाजाल्यार रक्कम जप्त जातली. हे करपाक 25 फ्लाईंग स्कॉड नेमल्यात. बॅन्कानी दुबावीत वेव्हाराची म्हायती बेगोबेग दिवची अशे ताणी आवाहन केला.

दक्षिण गोयांत 5 लाख 95 हजार 70 मतदारापैकी 2 लाख 88 हजार 243 दादले जाल्यार 3 लाख 6 हजार 818 बायला मतदार आसात.

व्हय येरावारी खात्यान दोन नलको फेरी बोत्री बाहुन घेवचाचे निश्थी॰ केला. हथा पुरी बीतनी किमान व चारचाकी गाड्यो बसु येना अशा पुरी बोध बीदपा चो खात्याचा विचार आसा देखुन नसो निवीदाय काहल्या. संघाच्या फेरी बाण चार 4 चारचाकी वाहना जान. रायबंदर मागीर चड नदी आसल. लेख हथा 4 फेरी बाटरीची सेवा दिली तरीय उनी पडय. हातुनल्या चारचाकी वाहनाची

यो क्य आसनाच. आनी फेरी बाट गच्ण भरता देखुन होगा घालपी पुरीबोटीना किमान स गाउयो जावु चल खात्यान तशो फेरी बारी बीदपाच निश्चीत केला. 29 में मृणसर हे विशीची निवीदा स्वीकारतले

**कोडीङ्ग आनी रोबोटीक येवजण 210**

राज्यांतल्या यत्ता 6 वी ते 8 वी मेरेनच्या 73 हजारा परस चड विद्याथ्र्याक कोडींग आनी रोबोटीक येवजणेचो लाव मेळिल्लो आसा. फुडल्या कांय दिसांत 160 परस चड शाळांक दरेकी बारा, जाल्यार हे शाळांक चडांत चड तीन कोडींग आनी रोबोटीक किट्स दितले, अशी म्हायती शिक्षण संचालक शैलेश झिंगडे हांणी सोमारा पत्रकारां कडेन उलयतना दिली. राज्य सरकारान यत्ता 6 वी ते आठवी मेरेनच्या विद्याथ्र्यां खातीर 2021 पसून कोडींग आनी रोबोटीक येवजण सुरू केल्ली. सरकारी आनी अनुदानीत मेळून 444 शाळांतल्यान 110 लीड शाळांची

निवड करून थंय ही येवजण सुरू केल्या. ही येवजण नियमीत आनी इत्सूक अशा दोन विभागांत सुरू केल्या. तातूंत नियमीत विभागांत 6 हजारां वयर जाल्यार इत्सूक विभागांत आठ हजारा वयर विद्यार्थ्यांनी कोडींग आनी रोबोटिकचें शिक्षण घेतला, अशें झिंगडे हांणी सांगलें. कोडींग आनी रोबोटीक येवजणेक अदीक चालना दिवपा खातीर 160 परस चड शाळांची निवड केल्या. ह्या शाळांक दरेकी बारा, जाल्यार हेर शाळांक चडांत चड तीन कोडींग आनी रोबोटीक किट्स दिवपाचो निर्णय घेतला. ह्या किट्सांत ड्रोण तशेंच हेर वस्तू करपा खातीरची उपकरणां आसतली, अशेंय झिंगडे हांणी नमूद केले. विद्यार्थ्यांनी ल्हान पिरायेतूच बदलत्या तंत्रज्ञानाचो अभ्यास करचो. तातूंतली कुशळटाय मेळोवची ह्या हेतान सरकारान कोडींग आनी रोबोटिकाक चालना दिवपाचे यत्न सुरू केल्यात. विद्यार्थ्यांक कोडींग आनी रोबोटिकाचें गिन्यान दिवपा खातीर 6 हजारा वयर तज्ञ तरणाट्यांची नेमणूक केल्या. तांचे वरवीं विद्यार्थ्यांक कोडींग आनी राबोटिकाचें धडे दितात, अशें शैलेश झिंगडे हांणी सांगलें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज भारत मंडपात स्टार्टअप महाकुंभांत उलोवप करतले. हो एक मंच आसा जो स्टार्टअप, नवनिर्माण करपी आनी उदैत्या उद्देजकांच्या संवसारांतल्या भागधारकांक एकठांय हाडटा अशें सोशल मिडिया पोस्टांत प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें. फाटल्या कांय वर्सांत स्टार्टअप संवसारांत भारताची उदरगत अदभूत जाल्या अशे तांणी मुखार सांगले. सोमारा सुरु जाल्ल्या तीन दिसांच्या कार्यावळींत एआय, बी टू बी, एग्रीटेक, डीपटेक, क्लायमेट टेक, गेमिंग, ईस्पोर्ट्स, फिनटेक, इनक्युबेटर आनी एक्सीलरेटर हांचेर मंडप सयत क्षेत्र केंद्रीत दालना आसात. स्टार्टअपांक वेंचर कॅपिटलस्ट, गुंतवणूकदार आनी संभाव्य वेवसायिक भागीदार सयत आविश्कारकांच्या स्पेक्ट्रमा कडेन जोडपाचो स्टार्टअप कार्यावळीचो हेत आसा.